**प्रमाणीकरण राज्य समितीची बसका जाली**

ता. 7 मे 2025

भारतीय मानक मंडळान गोंय सरकाराच्या नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याच्या जोड पालवान हालीच गोंय राज्याखातीरच्या राज्य पांवड्यावयल्या प्रमाणीकरण समितीची पयली बसका आयोजीत केल्ली. मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू हांचे अध्यक्षतेखाला नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याचे सचीव हांचे उपस्थितीत ही बसका जाली.

बसकेत गोंयांत मानक धोरण आनी आयएसआय चिन्ह उत्पादनांक प्रोत्साहन दिवप, सरकारी विभाग, उद्देग आनी गिरायकांमदी प्रमाणीकरणाविशी जागृताय करप आनी शाश्वत विकास आनी गिरायक सुरक्षा वाडोवप अशां विशयांचेर चर्चा जाली.

गोंय राज्यांत मानक कायद्याची कार्यक्षमपणान अंमलबाजावणी करून प्रशासन आनी उद्देगीक मळार दर्जो, सुरक्षा आनी कार्यक्षमतेची खात्री करपाक सगळ्या संबंदीत यंत्रणांनी एकवटान काम करपाचो बसकेत थाराव घेतलो.

बसकेक भारतीय मानक मंडळाच्या दक्षीण विभागाचे उपमहासंचालक प्रवीण खन्ना, संचालक जी. व्यंकटनारायणन, हुबळी शाखा कार्यालयाचे संचालक पी. एन, मुरली आनी हेर अधिकारी उपस्थितआशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/453

--

---------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.